


# एब लिंकन

## पुस्तकांचेर मोग आशिल्लो चलो

कोंकणी अणकार – अंकिता झांबावलीकार

के विंटर्स

आनी

नॅन्सी कार्पेंटर

# लेखकाची टिपणी

एब्राहेम लिंकन 1809 वर्सा, शिमेर, नॅन्सी आनी थॉमस लिंकन ह्या जोडप्याक जल्मलो. एक वर्स लेगीत ताचें उपचारीक शिक्षण जालें ना. आपले आवय कडल्यान ताका वाचन करपाचें प्रोत्साहन मेळ्ळें. पूण तो णव वर्सांचो आसलो तेन्ना, नॅन्सी दुदाचे एके पिडेन भायर पडली. हें दुयेंस, विखारी धवी सोरोप-मुळां खावपी गायचें दूद पियेवन जातालें. एका वर्सा उपरांत, एब आनी ताची भयण सारा खातीर थॉमस एक सवती आवय घेवन आयलो. एब खोशी जालो, कारण तिचे कडेन आशिल्लीं पुस्तकां! एक जुवान तरणाटो जाता-जाता ताणें उतरां भितरली शक्त पारखिल्ली आनी भाशणां, भासाभास बरोवपाक तशेंच आपल्या सादरीकरणांचो सराव करपाक तो वरांचीं-वरां घालयतालो.

1842 वर्सा, तो मॅरी टॉड वांगडा लग्न जालो आनी तांकां चार चले जाले - रॉबर्ट, एडी, विली आनी टॅड. एडी आनी विली भुरगेपणांतूच भायर पडलीं, हाका लागून लिंकन कुटुंब खूब दुख्खी जालें.


1847त, एबान कॉंग्रेस पक्षांतलीं आपलीं दोन वर्सांची मुजत सुरू केली. उपरांत राजकारण सोडून ताणें आपलें ध्यान कायदो-कारकिर्देचेर केंद्रीत केलें. पूण त्या वेळार देशाची विभागणी जाल्ली आनी गुलामगिरीचो मुद्दो सक्रीय आसलो. देखून लिंकनाक ओगी रावंक जालें ना. तो सेनट खातीर उबो रावलो. दोन फावटीं ताका अपेस आयलें, पूण ताणें हार मानली ना. कारण मुखार तांच्या उतरांचीं अवतरणां घेवप जालीं, तांच्या विचारांचेर भासाभास जाली, ते राष्ट्रीय स्तरार फामाद जाले.

1860 वर्सा, अमेरिकेचे सोळावे राष्ट्रपती म्हूण तांची नेमणूक जाली. यादवी युद्ध, ह्या अमेरिकी इतिहासांतल्या सगळ्यांत चड गोंदळाच्या वेळार, ताणें देशाची सेवा केली. ह्या संघर्शमय दिसांनी ताणें संघ राखून दवरपाचें धडपडीचें नेतृत्व केलें. 1 जानेवारी 1863 दिसा, ताणें मुक्ती जाहीरनामो चालीक लायलो, जातूंत अजुनूय विद्रोह चालू आशिल्ल्या कनफेडरसीच्या त्या वाठारांतले गुलाम आतां मुक्त आसात, हें जाहीर करप जाले.




1864त, लिंकन परत राष्ट्रपती म्हूण नेमून आयले, पूण 14 एप्रील 1865 दिसा, फॉर्ड थिएटरांत, जॉन विल्क्स बूथ हाणें तांचेर गुळी घाली. दुसऱ्या दिसा लिंकन भायर पडले. तेन्ना युद्ध सचीव एडवीन स्टॅण्टन हांणी म्हणलें, “आतां ते युगांचे जाले.”

आयज तांचें मुखामळ अमेरिकी नाण्यांचेर लिकलिकता, लिंकन यादस्तिकाचेर तांची मुर्ती ध्यान करता, देशभक्तीच्या सुवाळ्यांनी तांचीं उतरां आयकूंक येतात. लिंकनांक लागून आयज अमेरिका संयुक्त आसा, जंय खंयचोच नागरीक दुसऱ्याचेर आपली मालकी दाखयना. एब्राहेम लिंकनाचो पुस्तकांचेर आशिल्लो मोग, तातूंतले चेतोवपी विचार आनी उतरां कडेन आशिल्ल्या तांच्या नात्यान, अमेरिकी राष्ट्राक स्वतंत्रतायेची वाटचाल दाखयली, आनी तिचेर अमेरिकी लोक आयज चलतात.



1809 वर्सा, कँटकीच्या रानांनी एक चलो जल्माक आयलो. ताचे आवयन ताका एब्राहेम नांव दवरलें, लिंकन ताचें आडनांव. ताची खाट मक्याच्या कुंड्याची आसली. कपडे अश्वलाचे चामड्या पासून केल्ले. ऊंच झाडांच्या लांकडांनी बांदिल्ले खोंपींत तो रावतालो.



हे एके कुडीचे खोंपींत एबान आपलीं पयलीं-वयलीं उतरां फुतफुतलीं. मातयेचे घट्ट जमनीर तो आपलें पयलें पावल चल्लो. एका लांकडा उज्यान, थंडी पयस करपा वांगडाच मक्या-पाव भाजलो.


चामड्याच्या पट्ट्यांचेर, दार झोंपय मारून उगडटालें, बंद जातालें. एका ल्हानश्या जनेलांतल्यान ताणें पुराय जग पळयलें.

तो दोन वर्सांचो आसतना, ताच्या जनसमुहान आपलें सामान बांदलें आनी एब आनी ताची भयण सारा हांकां नॉब क्रीकाक व्हेलीं.

तांचे नवे खोंपीक, कंबरलॅण्ड ट्रेल लागीं आसली. सौदो करप्यांक, फुडाऱ्यांक, राजकारण्यांक, वेपाऱ्यांक, बंदी कैद्यांक पासार जातना एब हांणी पळयले.
व्हड जाता म्हणल्यार तो भोंवडेकारां वांगडा उलोवपाक लागलो-
ते खंय सावन आयल्यात, ते खंय वतात तें आयकतालो. ताका कळ्ळें, आपल्या जगा सावन तांचें जग खूब व्हड आसा. हाका लागून ताचे विचार विस्तारले. ताका प्रस्न पडपाक लागले. ताच्या सपनांक उत्तेजन मेळ्ळें.



शाळेंत, एक ते धा मेरेनचे अंक तो शिकलो. कोळश्याच्या खडून A ते Z मेरेनचीं अक्षरां ताणें चिरलीं.




शाळेंत म्हणूं नाका, घरांत म्हणूं नाका, दिसभर ताणें तीं अक्षरां बरयलीं.





धुल्लांत, झेलांत, लांकडांच्या लठ्ठ्यांचेर तो बरयतालो. एके तरेन ताचेर अक्षरांचो जादू जालो. ताका शिकपाक खूब आवडटालें.

ताचे आवय-बापूय शिकूंक नाशिल्ले. पूण सांज जातकच पुराय कुटुंब धगाक बसतालें, आनी ताची आवय तोंडपाठ आशिल्ल्यो बायबल-काणयो तांकां सांगताली. ताचो बापूय धागे विणटालो आनी फाकांडां करून तांकां हांसयतालो.





एब सात वर्सांचो जालो तेन्ना तांचो घराबो परत स्थलांतरीत जालो. डिसेंबराचे एके सकाळीं लिंकन कुटुंब भायर सरलो, तांचें ल्हान-व्हड सामान दोन दांडग्या घोड्यांचेर लादिल्लें.



चलून आनी घोड्यार रपेट करून तीं शंबर मैलांचेर आशिल्ल्या इंडियेना वाठारांत पावलीं.






एके तात्पुरते फेरीबोटीचेर तांणी ओहायो न्हंय पार केली. एबान, दाट झाडां-पेडांचीं जंगलां आनी घुस्पिल्ल्या वेलींची पांयवाट मांडपाक आपल्या बापायची मदत केली. निमणे कडेन आपले मालकीच्या जाग्यार तीं पावलीं.

लिट्टल पिजन क्रिक ह्या वाठारांत तांचे खातीर कसलीच खोंप नासली. ताच्या जाग्यार खांदयो, ताळयो, आनी लठ्ठ्यांचो एक अर्दो-उक्तो तंबू आसलो, थंय तांकां रावपाचें आसलें. तंबूची एक बाजू रानवटी वाठाराक उक्ती आसली.

कुटुंब सदांच जळवांची रास तयार दवरतालें. जळटी धग, लागसराक भोंवपी रानवटी जनावरांक पयस दवरतालीं.

अश्वल गुरगुरताले,
लांडगे हुयेली मारताले,
बिबटे, वाग आड्डताले.
एब थरथरतालो.
काळखाचो वेळ खरेंच भिरांकूळ आसलो.








उपरांत थंयच्या निवाश्यांनी ह्या कुटुंबाक एक घर उबारपाक मदत केली. आतां एब आनी सारा कडेन एक घूड आसलो, जाका तीं आपलो म्हणूंक शकतालीं.



एबाक आपले न्हिदेचे सुवातीर चडपाक आवडटालें. पूण बर्फ आनी वारें, खोंपीच्या चिरांतल्यान भितर रिगतालें. भायलें वातावरण नकळत भितर रिगतालें आनी वणटींचो झेल जातालो.


एबान फक्त एकदांच एका विलायत कोंब्याक (टर्की) गुळी मारली. पूण उपरांत ताणें केन्नाच कोणाचो जीव घेतलो ना. ताणें सोपूत घेतलो, आपूण केन्नाच जित्या-जिवाचो स्वास काडून घेवचो ना.





आठ वर्सांचो आसतना, आपली सुवात निवळ करपाक एब आपल्या बापायची मदत करतालो. ताणें कुराड वापरपाची कळाशी शिकून जायतीं झाडां सकयल पाडलीं. पूण तो पुस्तकांतलें गिन्यान मेळोवपाक आनी शाळेक वचपाक आशेतालो.

एब णव वर्सांचो जालो तेन्ना ताचेर वायट दिसांचें सांवट आयलें. दुदाच्या एका दुयेंसान ताची आवय भायर पडली. काशांवांत घालपा खातीर एबान कांय खुंटे कातरले. ताच्यान आवयचें नांव घेवपाक जालें ना, इतलें गंभीर ताचें दुख्ख आसलें.



एक वर्स पासार जालें. ताचो बापूय नवे घरकान्नीच्या सोदांत गेलो. ताणें एके विधवेक आनी तिच्या तीन भुरग्यांक हाडलीं. ती विधवा व्हड काळजाची आसली. आपल्या भुरग्यां वांगडा तिणें एब आनी साराकूय आपली माया दिली.






तिचे कडेन पुस्तकां आशिल्लीं. काम सोंपतकूच ती एबाक तीं पुस्तकां वाचपाक दिताली. लांकडां-लठ्ठ्यांच्या तांच्या घरांत परत एकदां घरपण नंदपाक लागलें.

तिणें भुरग्यांक परत शाळेंत धाडलीं. एब साप्प मोटवी हरणाची चामडी आनी एक रॅकून टोपी घालतालो. ताणें आपलीं अक्षरां विलायती कोंब्याच्या पांखान बरयलीं.

“एब्राहेम लिंकन हाची
शिकपाची इत्सा जबर,
तो केन्ना बऱ्याक पावतलो
देवाक खबर.”

लांकडाच्या फळयांचेर तो बेरीज-वजा करपाक शिकलो.
पूण हाचे परस ताका वाचप, ‘स्पॅलिंग बी’ जिखप, धागे विणप आनी काणयो सांगप चड आवडटालें.



शाळा बंद आसताली, तेन्ना तो शेतकामत्यांच्या शेतांनी काम करतालो. ताचो बापूय ती येणावळ कुटुंबा खातीर वापरतालो.

एब लांकडां चिरतालो, बांयो खणटालो, झाडां कापतालो.

पूण दर वेळा काम करतना तो शिकपाक आंवडेतालो.


जो कोणूय ताच्यो खबरो आयकतालो,

तो तांकां सांगतालो, “हांव ज्यो गजाली जाणून घेवपाक सोदता, त्यो सगळयो पुस्तकांनी आसात.”










एक फावट, ताणें मागून हाडिल्लें एक पुस्तक, खोंपीच्या पाख्यांतल्यान पोंवपी पावसाच्या उदकांत चिप्प भिजलें.

उपरांत सेगीत तीन दीस आपल्या इश्टाच्या शेतांत मक्या-देंठ खुंटून, ताणें ताची भरपाय केली.




एब नांगरतालो, तेन्ना ताच्या फाटल्या बोल्सांत सदांच एक पुस्तक आसतालें. दर एके पंगतीच्या सोंपत्यार तो तें भायर काडटालो आनी वाचतालो. ताचो घोडो पुस्तकाचें पान परतुपाची वाट पळयतालो. तर दुसरे वटेन, शेजारी ताका आळशी म्हणटाले.

ह्या पुस्तकी चल्याक ते समजूंक पावले नात. एबाक खबर आसलें, ह्या रानवटी वाठारांतल्यान आपणें भायर सरपाक जाय. लांकडां चिरप आनी नांगरप, हें ताचें सपन नासलें.

एकुणीस वर्सांचेर ताणें एक थपकटें व्हडें न्हंयचे सकयले वटेन तारलें. जंगला पेल्यान सरून ताणें पयले फावट नवे लोक आनी नवे वाठार पळयले. ताणें काळया दादल्या-बायलांक आनी तांच्या भुरग्यांक सांखळेन बांदिल्लें पळयलें.

तांचे तकले वयर एक कुरू आसली, ‘**पावणे खातीर.**’

**कुराडें, परशू वा नांगरा भशेन विकपा खातीर एक जीण? ताका खबर आसलें, दुसऱ्यांचेर आपली मालकी दाखोवप, हें चुकीचें.**




एब, न्यू सालें, इलिनॉयस हांगा स्थायीक जालो.

ह्या वाठारांत शंबर वा शंबरा वयर लोक वस्ती करून आसले.

हांगा एका जनरल स्टोरांत तो कामाक लागलो.

ताचे विशीं लोक एक घडणूक सांगताले, ती म्हणल्यार, एक फावट ताणें एका गिरायका कडल्यान स सॅण्ट चड घेतले, पूण ते परते करपाक “प्रामाणीक एब” कितलेशेच मैल चलून गेलो.



जायते फावटीं, एबाक आपलें मोल बुद्दीन न्हय तर शारिरीक बळान सिद्ध करचें पडटालें. स्टोराच्या मालकान ह्या रानाच्या मुखेल्या विरुद्ध दंगेखोर पंगडाची एक कुस्ती मॅच दवरली. नाइलाजान, त्या दंगेखोर जॅक आर्मस्ट्रॉंग वांगडा झगडपाक एबान हयकार दिलो.

कोण म्हणटालो, एबान ताका जमनीर आडवो घातलो, तर कोण म्हणटालो, जॅकान एक युक्त वापरून एबाक हरयलो.





पूण जॅकान एबाची ताकद पारखिली तेन्ना ताणें ताका हात दिलो. आनी मुखार येवपी जायत्या वर्सां खातीर ते घट्ट इश्ट जाले.




धगाच्या उजवाडांत, शिक्षक नासून लेगीत तो कायदो शिकलो. बेगिनाच, तो न्यायालयांनी आदवोगाद म्हूण वावुरपाक लागलो. ताका कळ्ळें, उतरां मनशाक मुक्त करूंक शकतात वा ताका कादयेंत घालूंक शकतात.


ताणें पळयलें, उतरांक लागून लोकांची चिंतपाची तरा बदलता.

एबान राजकारणांत पावल दवरलें, तेन्ना ज्यो चुको तो सुदारपाक सोदतालो, त्या चुकांक मदेंतकाक धरून ताणें आपलीं उतरां वापरलीं.

इश्ट म्हणटाले, ताणें एका सार्वजनीक पदा खातीर उबो रावपाक जाय. ताणें पयली काँग्रेसा खातीर यत्न केलो, आनी उपरांत सॅनटा खातीर. निमणे कडेन देशाच्या सर्वोच्च पदा खातीर तो उबो रावलो.







एब्राहेम लिंकन---

लांकडांचे खोंपींत जल्मल्लो.

शिमेवेलो भुरगो,

जाका पुस्तकांची आवड---

अमेरिकेचे सोळावे राष्ट्रपती!

रानांतल्यान भायर सरून

वायट हावजा (white house) मेरेन.

ताणें उतरांची शक्त पारखिली

आनी तांचो बेस बरो वापर केलो.



शेवट